म्हजो नमस्कार

अभयकुमार वेलींगकार

म्हजो नमस्कार

(काव्य संग्रह)

अभयकुमार वेलींगकार

शणै प्रकाशन
वेलींग

म्हजो नमस्कार
(काव्य संग्रह)
अभयकुमार वेलींगकार

Mhajo Namaskar
(A Konkani Poems)
By : **Abhaykumar Velingkar**

सगळे हक्क :
प्रियागा वेलींगकार

उजवाडावपी :
अभयकुमार वेलींगकार
शणै प्रकाशन
वेलींग - म्हाड्डोळ
गोंय 403404
मोबायल - 9423884687

पयली उजवाडावणी :
डिसेंबर 2021

प्रकाशन क्रमांक : **64**

छापपी :
रिया ग्राफीक्स
पोरणें गोंय -403402

मुखचित्र :
श्रेयश कारवारकार

मोल : रु. 130/-

ISBN : 81-86390-22-7

सुटके झुजारी, कविवर्य

नागेशबाब करमली

हांका आदरान अर्पण

–अभयकुमार

मांडावळ

1.	मुक्तक	 5
2.	शारांची काणी	 8
3.	जल्म - कांय कविता	19
4.	म्हजो नमस्कार	31
5.	ल्हानपणाची याद	35
6.	तुज्यो कविता	40
7.	तुवें घात मारलो	48
8.	अपेस सगळें इव्हिएमाचें	52
9.	नवें गोंय	60
10.	कांदो आनी बटाट	63

1.

मुक्तक

एकूच गजाल परत परत सांगूक जायना
एकूच त्रास परत परत सोसूंक जायना
कितलोय जरी यत्न केलो सत् लिपोवचेलो
खरें, वयर उफेले बगर कशेंच रावना.

*

बऱ्याक म्हूण गेल्लों, आंगार तो आयलो
बाबा पुता केलो, 'खातलों' म्हणूंक लागलो
दुसऱ्याचें बरें चितचें, वोगीच तें म्हणप
दूद पियेवंक दिल्यारूय विखूच तो ओंकतलो.

*

गेल्ल्या गजालींची याद काडून उपयोग कितें?
जाल्ल्या वादळाची याद धरल्यार उपयोग कितें?
जगतलो जाल्यार सुखां-दुख्खां सोसूंक जाय
सुखदुख्खा बगर जिविताचो उपयोग कितें?

*

दुसऱ्यांक दुकां गळोवंक लावन जो हांसता
दुसऱ्याक फोंडांत उडोवन जो सूख सोदता
ताचो समजात लार्गी आयला शेवट
हांगा नासल्यार थंय ताका ख्यास्त मेळटा.

*

ह्या जिवितान सगळो संवसार पळयला
ह्या जिवितान नवो इतिहास घडयला
जेन्ना देखलें सत्याचें जैत जाता
ह्याच जिवितान क्रिस्ताक खुरसार चडयला.

*

पोटा खातीर मनीस जिवीत विकता
पोटा खातीर केन्नाय भुरगेंय विकता
चार वेतांचो खड्डो हो भरचे खातीर
जल्माक घालप्याक लेगीत विकता.

*

पोट भरलेल्याक सुचता देव आनी धर्म
मन भरलेल्याक दिसता सगळेच खोशी
सगळें आयकूंक दिसता बरें पूण
भुकेन बरीं मनशां लेगीत जातात पिर्शीं.

*

घर सोडून फुटपाथार कोण येवन रावला?
सूख सोडून दुख्खाक कोणे केन्ना आपणायलां?
गांधी, येशू, बुद्धाचीं नांवां घेवंक सोपें
उलोवचेलें सोडून कोणे तांचेवरी काम केलां?

*

भायल्या चोरापरस घरच्या भेद्र्यांचोच भंय
बँकेक चोरांचो न्हय मेनेजराचो आसता भंय
कितेंय सांबाळटलो तर घालची पडटा वंय
दुस्मानाचो न्हय इश्टाचोच आसता भंय.

*

जितलीं म्हूण लागीं आयलीं, पयस आमी जालीं
काळजांतली मुर्त तुजी ना जायत गेली
तुका आपणावपाचो यत्न केलो कितलो
पूण तूं मात एकदीस दुसऱ्याचीच जाली.

*

जें कितें गेलां ताची पर्वाच ना
जें कितें जोडलां ताची इत्साय ना
नशिबाचेर विश्वास दवरला हांवे
ह्या संवसारांत सुखी आनी कोण ना.

*

कुपां जरी आसलीं वेगळीं, पावस एकूच आसता
दर्या जरी आसलो वेगळो, उदक एकूच आसता
जाती धर्माचे हे भेद कित्याक? 'नाका' म्हणचे
आमी जरी वेगळे आसले, मनां मात एकूच आसतात.

*

दुख्खान सायबा मन हें रडटा
घाय सोंसप खूब कठीण जाता
संकश्टाचेर मात करात सांगूंक सोपें
कांटो तोपिल्ल्याकूच दुख्ख कळटा.

*

देवा, तुवें मनशाक पोट दिलें
तशें वायटशें केलें ना तुवें
पूण मनशाक भूक कित्याक दिली?
प्रस्न विचारल्यार जाता न्हय हांवें?

*

पयशे नाशिल्ल्याक येना बेगीन मरण
कारण ताचेलागीं नासता दुड्डू
हाडूंक आपलेखातीर सरण.

■■■

2.

शारांची काणी

1

खापऱ्यांवरी, दांबर घालून
काळ्या केल्ल्या रस्त्यांक
आशिल्ले, लांशे पडिल्लेवरी खड्डे
गाडयेंत बशिल्ल्यांची
हाडां खिळखिळायतात.
ह्या रस्त्यांक गाळी घालीत वचपी
उगडे पांय, खड्ड्यांतल्यान
उसळपी उदक सांबाळटात.
हे रस्ते आमच्या शाराचें वैभव
दळदिऱ्या लोकांनी,
म्युनिसिपालिटीचे जागे आडावन,
आपलीं बोल्सां फुगयत,
ह्या रस्त्यांक दळदिरे केल्यात.
केन्ना वतलीं तांची लाशीं?
हाची सगळेच वाट पळेतात.

2

रस्ते पळेतात शेजारचीं घरां
घरांचे नळे वचून
तांकां तेर्रास आयले,
दिवे वचून लायट आयली.
रस्त्याच्या कुशीक खांबे उबे
लायटीचे, टेलिफोनाचे
घेवन आपल्या माथ्यार
वायरीच्यो जाळयो.
घरांक बांदल्यात एरियली
आनी ह्याच घरांकुशीक
खोपी, मोटव्या मनश्यांवरी
घाणीचो दर्यो घेवन वावुरतात
माथ्यार कळमेल्ले पत्रे,
वण्टीक, विटो – फातर
मेळत तशे उबे.

3

अशीच एक झोपडपट्टी
कालसावांत हात घालून खाजयत
भितर सरपी बेबद्यांक पळयत उबी.
हांगा दीस उदेता
तोच रातचो
ह्या बेबद्यांच्या आनी
हेर खाजीच्या
मनशां वांगडा वावुरपाक.
कोणूय तरी जितें मडें,
खोपी दारांत उबें रावन
बुरश्या हालचालीनी
लोकांक खुणायता आनी
तांचे वांगडा हे खाजोळे
भितर सरतात.
ह्या बेबद्यांक त्योच अप्सरा
आनी सोरो देंवतकूच
हेय देंवतात, खोपीचीं दारां
उजवाडाच्या वोतांत
मान सकयल घालून चूक मागतात
आपलीच आनी आपणांक भोगशितात.
परत अशें करप ना
हे विचार वोत आससर उरपाचे
जेन्ना, खोपींतलीं सुकणीं
रातचें जागरण निवळावपाक,
सुस्त न्हिदिल्लीं आसतात.
ह्यो खोपी म्हळ्यार थडींच.

4

शाराच्या एका कोनशाक
फॅक्टऱ्यो चलतात.
तांची रस्त्यांक लजोवपी काळीं
धुंवर ओंकपी धुराडीं
कितल्याश्याच कामगारांक
टी.बी. जावंक हात दितात
फॅक्टऱ्यो भोंगे वाजयत रावतात
भोंग्या वांगडाच कामगार धांवतात
जोतीं झरतात, हाडां हालतात
लोकांक कोंब्याचो साद आयकुची
संवय ना आतां
ते भोंग्याच्या आवाजाचेर आपलीं
कामां करतात, उठ्ठात, न्हिदतात.
जिविताक रफू करीत करीत
जीण सारतात आनी
खंय आसा देव? म्हणून
ताका सादायतात.

5

सोबीत सोबीत तोंडां
लिपस्टीक लायात, काजळ भरात
बरे बरे कपडे करात
नाखटां रंगयात
बेगीबेगीन भुती भरात
वेळ जालो, वेळ जालो
केंसार फणी मारात
उरिल्लें झक माल्लें
बेगीन भायर सरात
बस आयली, वेळ जालो
बसींत गर्दी, उबीं रावात
दारांत हुमकळात
'मात्सो घे रे, उशीर जातलो'
निमाणे मेरेन उबीं रावात
आनी उब्यार्नीच मरात.

6

पणजी, मडगांव, वास्को
सगळेच गळयतात दुकां
हांगासल्ल्या मोरांची
झडलीं केन्ना पाखां.
सगळे हांगचे पळयतात
भरचे कशे आपले साक
तेखातीर बुडयतात ते
हळशीकेंतूय नाक.
हांगासल्ल्या कोणाकूच
सपनां आतां पडनात
पडलीं तरी तीं
केन्नाच खरीं जायनात.
बावले हांगचे सोबीत मळे
पळयतल्यांचे फुटून गेले दोळे.
पणजे-फोंड्या वचूं जाय कित्याक?
आनी कित्याक?
जाय न्हय पोटाक.
दर एकाचे फाटीर आसा वजें
कोणूच नकळो तें कोणाचें
दर एकाची बागवल्या मान
आयकून सगळें, ते वागतात
जशे फुटल्यात तांचे कान.
पणजे-मडगांव-फोंडें
कोणे हांसचें, रडचें कोणें?
वास्को-म्हापशें
वागात पांगरून पिशें!

7

मंदा, लींदा, बिंदा
बेगीन तोंडां रंगयात
ऑफिसाचो वेळ जालो
बेगीन बसींत चडात.
मंदा, लींदा, बिंदा
घर-दार विसरात
टायपरायटर पळयता वाट
बेगीन ताका धोडयात.
फ्रान्सीस, जोशी, खान
बसात मोडून मान
मोडूं मान, वळूं तकली
दीस रात काम काम.
पिकले केंस, फुटली तकली
पेटय लायट, मार 'नायटी'
फायलींक सगळ्या लागल्या वायटी.
पगार बेगीन बोल्सांत घाल
दोन दीस फोल्न मार
नळाच्या उदकावरी
खोदूळ जिवीत जिये
नळाक उदक नासलें तर
बियर-फेणी पिये
घराघरांत जाल्या गादी
सोरो चडटकूच बायल न्हय मादी.
सपनांक लाय पिनी
घरांत राव 'मिनी'
निमणे मेरेन तकली फोड
मरण करतलें जिवीत गोड.

८

एअर कंडीशन ऑफीस
तातूंत बसता एक बॉस
फोन कानाक, विचार मनांत
कितेंतरी पुटपुटटा तोंडांत
'येस, फेस' इंग्लीश उलयता
सुळसुळीत पोल्यां वयल्यान
हात भोंवडायता.
गाडयेन येता, गाडयेन वता
खिणाखिणाक बेल वाजयता
तोंडांत सिगार, हातांत पेन
मुखार फायल, दिसूंक यंग मेन
ताचे दीस अशेच वतात
मागीर ताका अल्सर जाता
केन्ना तरी हार्ट अॅटेक येता
पूण निमाणें मात
तो कॅन्सरान मरता.
मरचे पयलीं तो न्हिदे गुळयो घेता
आनी सिगार तोंडांत धरून न्हिदता.

9

वेळेवयल्यो चेडयो
आपल्यो कुडी घांसून पुसून
सोणां रंगोवन
उबीं दवरतात, दर्याचे वेळेर
येतल्या वतल्यांक खुणायत
गिरायकांची वाट पळयत
चेडयो आपलीच जायरात करतात
पांच रुपया, धा रुपया
येयात, येयात कितलेय येयात.
धुंवरेल्ले खोपींत
दिव्याच्या मिणमिणपी उजवाडांत
शांत जायात, न्हिवात.

10

शारांतले रस्ते, दिवाळी करतात
केन्ना तरी, जेन्ना म्युनिसिपालटीचे
लोक येवन खांब्याक दिवे घालतात.
लोकांक काळखांत रावप आवडटा
चान्ने कशें पालवतलें
होच विचार ते करतात
तेन्नाच रस्त्यांचेर दिवे पेट्टात.
चलपी पावलां आनी तांच्यो
सांवळ्यो जेन्ना लागीं पावतात
तेन्ना इंटीमेट चेराच्या वासांत
पानांचो वास मेळटा.
अडेचें हांसप, वेंगावप, तापोवप
आनी ल्हवूच आपलें अस्त्र काडप
पयशे हातार पडले कीं
कडेक काडून इंटीमेटाचो वास
दुसऱ्या वासाच्या सोदाक लागप.
सोऱ्याचे धुंदेंत हांसप्याच्या शेजरा
भुकेल्ल्या पोटार भजन चलता
फुटपाथार भोंवतात गाडे चणे-भिकणांचे
हमाल चडटात हॉटेलां
खुळखुळायत पयशे पाव-भाज्जेखातीर
रस्त्यार सुणीं भोंकतात
गाढवां रस्त्यार भोंवतात
रस्त्यावेले बल्ब लजेन दोळे धांपतात.

11

अशा ह्या आमच्या शारांत
सगळेच दीस सारखे
वोत माया म्हयन्यांतलें
हांगच्या सुकण्यांक अडेचीं पाखां
पारव्यांक अडेचे रंग.
हांगचीं घरां रस्त्यांक
पळोवपाक भियेतात
दर एका मनशाचें मनीसपण,
गिरेस्तकाय, गरीबी
थारिल्लीच आसता.
गिरेस्त, गिरेस्त जायत वतात
गरीब, गरीबूच उरतात
ऑफिसां सदचेवरी चलतात
गाडयो धांवतात
गर्दी, चड थोडी जायत आसता
चावयेच्या खेळण्यावरी
सदांच कोण जल्मता
कोण मरता आनी
ही शाराची काणी
अशीच चलता, एकेच तरेन
थांब नासतना ......

■■■

3.

जल्म - कांय कविता

1

ताणें जल्म घेतलो
विचित्र जल्म...
सामको एका पांयार तो जल्मलो
ताच्या दुसऱ्या पांयार मळब आसलें
हातांत नकेत्रां धरलेलीं
ताचे फुडें जल्म
'नांव नाशिल्लो' जावन राविल्लो.

2

ह्या जल्माची एक मजाच दिसता
दळिद्री लोकांगेर तो
शेंकड्यांनी फावट जल्मता
आनी गिरेस्तांगेर,
जल्मूच घेना.
घडये ताका,
दळिद्रान रावप आवडटा जावंये.

3

म्हाका रोखडोच वचूंक जाय
कांय खिणां पुरतोच हांव हांगा आयिल्लों
परतो वचून,
म्हाका परतोय येवंक जाय
कांय दीस हांगा, कांय दीस थंय
खुबश्या आवयांच्यो
कुशी म्हाका उजोवंक जाय
खुबश्या गर्भांक उजवाडांत हाडूंक जाय.

4

काल तिका एडमिट केली
आनी आज ती सुटली.
ताच्या जल्मा वेळार,
तिणें मातूय हूं जावं चूं केलें ना.
वेदना तिच्या तोंडार दिसताल्यो
पूण तिणें त्यो सोंसल्यो
आनी कोण जल्मलो तें पळोवंक,
सगळ्यांनी गर्दी केली.
सगळ्यांच्या तोंडार खोशी आसली
पूण जिणें दुख्ख सोंसून,
ताका जल्माक घालो
तिचेकडे मात कोणाचेंच लक्ष नासलें
ती अजून दुख्ख सोंसताली.

5

ताणें आज एक 'जल्म' जल्माक घालो
दर म्हयन्याक ताणें इल्लें-इल्लें काम केलें
कितलेशेच दीस तो थांब नासतना झरलो.
ताणें राती जागयल्यो
त्यो पुस्तकां वाचूंक
वा कविता करूंक न्हय.
हातुण्णाचे भिकूण, जल्ले मारूंक न्हयच-
तर नव्या जल्माची तयारी करूंक.
ताणे केन्नाच तिका मेकळी सोडली ना
आतांच तिका मात्सो सुशेग मेळ्ळा
नव्या जल्माक 'जल्म' दितकूच.

6

ताणे म्हाका गाळी घाल्यो
म्हज्यो केश्ट्यो ओडल्यो, म्हाका माल्ली
पूण म्हाका ताचो राग आयलो ना
सगळेच घोव, बायलांक मारतात
पूण ताणें म्हाका वांजूट म्हळें ...
तेन्ना मात रागानूच, ताका दाखोवंक
हांवे एका भुरग्याक जल्म दिलो
ताची पर्वा करिनासतना..

7

भुरग्याच्या रडपाचो आवाज
घरभर घुमलो आनी
सगळे जाण तटस्थ जाले
सगळ्यांनी आपुणूच सुटिल्ल्याचे
सुस्कार सोडले
आनी आपली खोशी परगटावंक
गोड गोड खावंक लागले.
ते सामके पिशेच जाल्ले,
घरांत, घरांतल्यान घराभायर,
वाड्यार, गांवांत
सगळेकडेन पावली गजाल
बाबू जालो, बाबू जालो
बायलें बाय बाळंत जावन बाबू जालो.
बाबू जालो म्हूण,
इतले पिशे कित्याक जातात?
बाबू आपूण जावन येना,
कोणतरी ताचे खातीर यत्न करता
निमणे यत्न मात तोच करता
आनी ताचो जल्म जाता.

8

ताची शर्यत सुरू जाता
ती वेदनेन वळवळटा,
पळेतां पळेतां वेदना तिका फाटीं उडोवन
पयस पयस पावता,
तिच्यान सोसूं नजो अशी
पूण ती कशी तरी सोंसता
तिका आवय जावची उमेद आसता.
तो आतां तकलेन धांवता
आनी खिणांत ब्रम्हदेव जिखता,
शंकर हारता.
एक 'जल्म' जल्माक येता.
तो उजवाड पळेता
ताणें तो केन्नाच पळोवंक नासता
आपूण खंयतरी दुसरेकडेन पावलां
हें जाणा जावन तो रडूंक लागता.
आपूण जावन हांगा आयलां
म्हणपाचें तो विसरून वता
तो रडटा तेन्ना वेदना हरता.
'ती' आपूण आवय जाली,
देखून खोशी जाता.

9

आतां हें पिरंगप कित्याक?
दोळ्यांत हीं दुकां कित्याक?
णव म्हयने सांबाळ्ळो पोटांत
आतांच दुख्ख भायर फोडटा कित्याक?
पोटाक हात दामून धरलो म्हूण
दुख्ख ल्हव जातलें व्हय?
कितलीय करंदाय मारली तरी
हांव भायर येतलोंच
म्हाका उजवाड पळोवंक जाय
चंद्रिमा, चांन्ने पळोवंक जाय
कांय खीण सोस दुख्ख, सूख मेळटलेंच
'आवय' ह्या उतरांत
तुका ब्रम्ह मेळटलें.
हांव जातलों कृष्ण गे
हांवूच जातलों येशू,
पैगंबर हांवूच गे,
हांव जातलों गुरू.
दुबाव ना, तुका देव पावला
देखून, म्हजो भायर येवचो वेळ जाला.

10

एक ऑफीसर,
सामको दुश्ट ... हलकट
सगळेच ताका भियेताले
तोय दीसभर फकत तापतालो
ताचे तावडेंत सांपडिल्ल्याचें,
न्हेसण जातालें ओलें, सामकें हडवें.
आज तो सामको खोशी आसलो
ऑफिसाक आयलोच उसरां
येना फुडेंच प्युनाक आफयलो
आनी पेढे वाटूंक लायले
सगळे अजाप भरीत... पळेत उरले
मागीर ताणेंच सांगलें,
ताची बायल बाळंत जाल्ली
तो बापूय जाल्लो.
एका 'जल्मान' तागेर येवन
ताका खोशी केल्लो.

11

हो काळोख आतां सोपतलो
आनी मागीर दिसतलो
उजवाड, फकत उजवाड
आतां मेळत त्या दारांतल्यान,
जाता तितले बेगीन भायर सरचेलें
कितल्याय ल्हान खांचीतल्यान शिरकटचेलें.
ते मंद कांकणांचे आवाज,
लोकांचो बोवाळ आनी तें पिरंगप
भायर सरतकूच चड बरें आयकूंक येतलें.
फुडल्या खिणाक हांगा रावप ना
हो काळोख आतां सहन जायना.
हांगा अवलंबून रावचें पडटा,
त्या शिरांचेर, त्योच कितेंतरी दितल्यो म्हूण
पूण त्यो पयलीं आपलें पोट भराता
आनी उरिल्लें हांगा धाडटा,
सुण्याक घाल्लेवरी.
आतां हें सोपोवंक जाय
हें सोपतलेंच ...
एक ... दोन... आनीक
(कांय वेळ पिरंगुपाचो आवाज आनी
उपरांत भुरग्याचो रडपाचो आवाज)

12

मनीस कसो जल्मता?
सांगप खूब कठीण!
आतां, दोळे कित्याक धांपतात?
हाची जाप एकवेळ सोपी
कित्याक धांपता?
तर दोळ्यांत धुल्ल वचत म्हूण!
धुल्ल कसो वता?
वाऱ्यान उबता आनी वता!
वारो कसो येता?
झाडां हाल्लीं की वारो येता!
झाडां कशीं हालतात?
वारो आयलो म्हणजे झाडां हालतात.
आतां, वारो पयलीं व्हांवता
काय झाडां पयलीं हालतात?
सांगप कठीण, जशें
मनीस कसो जल्मता सांगप कठीण.
दोळे उगडले म्हणजे मनीस जल्मता
आनी पळोवचे खातीर दोळे उगडटा.
इतलेंच सांगपाचें ....
आनीक कितें?

13

गाडयेचें चाक जशें फिरत आसता,
तसोच जल्म फिरता.
जल्माच्या भोवऱ्यांत सृश्ट घट्ट बसयल्या
ब्रम्हदेवाचे सांगणेन ती फिरता.
आमी परतीं परतीं जल्म घेतात.
हे जल्मा, तुका नमस्कार!
तूं आसा म्हणून मनीस आसा
तूं आसा म्हणून देवाची पुजा तरी जाता
तूं आसा म्हणून स्राद्ध, म्हाळ तरी वाडटात
तूं आसा म्हणून कावळे, कोंबयो
जोडी नासतना जगतात
तूं आसा म्हणून लेखक, कवी आसात
तूं आसा म्हणून कीर्त आसा
तूं आसा म्हणून जिवीत आसा
आनी तूं म्हणुनूच मरण आसा.
हे जल्मा, तूं सामको भित्रो
तुजे इतलो अपेशी कोणूच ना, देखून
मरण तुजेर परतें परतें जैत जोडटा
पूण तूं निलादूरो कसो परतो परतो जल्मता
तूंच आमचो चंद्रीम, तूंच आमचो सुर्या
एकूण, जल्मा 'यू आर ग्रेट'!

14

जल्म खंय आसता?
पयलीं घरांत, काळखे कुडींत आसतालो
आतां सगळेच कडेन आसता
हॉस्पिटलां ताचे खातिरूच आसता
ते भायर जल्म मोटारीनीं, विमानांनी, बोटींनी
आनी आतां तर,
रस्त्यांत, मळार, फुटपाथार सगळेच कडेन.
पयलीं 'जल्म' लग्न जातकूच जल्म घेतालो
आतां लग्ना पयलींच जल्माक येता आनी
बाबडो खंयतरी, आवय बगर वळवळटा -
कांय 'जल्म' तर जल्मुचे पयलींच
मरुन वतात.

15

जल्माची वळख हांव कितें करतलों
ताका तुमी वळखतात,
तितलोच हांवूय वळखतां.
तो वाऱ्यावरी धांवना,
शेतावरी हालना - धोलना.
तो मरणाक लेगीत भियेना
तो दर एकाच्या दोळ्यांत दिसता
ताका आकार आसना
तो जाचो आकार घेता तो, तो जाता
केन्ना मनीस, केन्ना सुकणीं, केन्ना सावदां.
ताचे इतलो ल्हान कोणूच ना
ताचे इतलो म्हानूय कोणूच ना
तो देवाचो पूत ... देवाचो बापूय ...
ताका लागून देव आसा ... देवाक लागून तो,
इतलें खरें तो अजून आसा
आनी मुखारूय आसतलो.

16

ब्रम्हदेवान सृश्ट निर्मिली
म्हणजेच जल्माकूय ताणेच निर्मिलो
पूण ताच्या नशिबांत मात, वायट तेंच दवरलें
एक - रडप
जल्माक येतना रडत येतात
रडलोना तर मुद्दम रडयतात
आनी मागीर थांबयतात, हांसयतात.
पळेली, सलामी रडून दितात.
दोन - वांकडें तोंड
जल्माक येतना तो येता
लोकांक तें जाय आसता
जावं लोकांक तो जाय आसतना
तें जल्माक येता.
चडशें तें जल्माक आयलें तर
सगळीं तोंडां वांकडी जातात.
तीन - रडप
परतेंय रडप
जल्माक घालतल्याच्या नांवान
म्हळ्यार जल्माच्याच नांवान रडप
हें कोणें सांगलें वा कशें कळळें
तें सांगची गरज ना
म्हजोय जल्म जाला.

■■■

4.

म्हजो नमस्कार

उदेत्या सुर्याक
नमस्कार करप्यांक
म्हजो नमस्कार.

सर्दींच नवो सुर्या
उदेता आनी
लाखांनी, कोट्यांनी
नमस्कार घेता.
पूण अस्तमतेक
वतना मात, ताका
कोणूच पळेनात
देखून जावंये
दुख्खान तो
तांबडो जाता
आनी ताचो
सूड घेवंक
दुसरे दिस
सकाळींच उदेता.
फाटलें सगळें
विसरून,
नव्यान ताका
नमस्कार करप्यांक
देखून म्हजो नमस्कार.

काल दिवाळें काडपी
आज नवे उमेदीन
वेपार करूंक
भायर सरलेलो
पळोवन, ताका
येवकार दितना
कालचें दिवाळें
विसरप्यांक
म्हजो नमस्कार.

आज ताणें
उजवाड हाडला
ठोक, किरकोळ
सवाय विकूंक.
रेशनींग ना
जाय तो घेयात
तो जाणा
सगळो उजवाड
उदारेर वतलो
आनी तिनसांज मेरेन
तो दिवाळें काडटलो
ताका ताची पर्वा ना.
सांजे तयार जावन
तो सकाळीं येतलो
आनी सगळे धांवतले
ताका नमस्कार करूंक
तांकां, देखुनूच म्हजो नमस्कार.

दिवाळें कोण काडिना?
पूण अपेसान
निर्शेनासतना,
परती तकली
वयर काडून
लोकांचे नमस्कार
घेवपी तो,
एकलोच आस.
सकाळींच उठून
अगीं ओपून
ताका भुलोवन
उजवाड घेवपी
आनी ताचें
दिवाळें वाजोवपी,
आपणें कितें केलें
तें विसरून
परत ताकाच
पायां पडप्यांक
म्हजो नमस्कार.

दुख्खांत,
सावळी लेगीत
फाट सोडटा
अशा वेळार
कांय जाण
जीव दितात.
तिनसांजच्या वेळार
उजवाड सोंपलो म्हणजे
जीव दिल्ल्याचें
सवंग करपी
आनी पेंवून
दुसरे वाटेन वचून
नव्यान वेपार
करून, लोकांचे
नमस्कार घेवप्यांक
म्हजो नमस्कार.

म्हजो नमस्कार
नमस्कार घेवप्याक
नमस्कार करप्यांक
आनी हांचेकडेन
फाट करतल्यांक.

■■■

5.

ल्हानपणाची याद

1

दोन पिलां सुण्याचीं
एक धवें, काळ्या थिपक्यांचें
दुसरें मातये कोराचें
दोगांय रस्त्यार खेळटात
आमकां ल्हानपणाची याद दीत.

2

रस्त्याकडेक एक घर
घराक एक जनेल
सदांच धांपिल्लें
कोणेच तें उगडूंक ना
उगडलेलें कोणेंच पळोवंक ना
कोळयान कितलींतरी जाळीं केल्यां
घरांत कोणूच रावनात काय?
जनेलाक किद्याक पळेनात?

3

घरा सामकार एक झाड चिचेचें
कुचकुचीत पानांनी भरिल्लें
वाऱ्या वांगडा धोलपी पानां
कितलीं तरी सकयल पडटात
नवीं कितलीं जल्माक येतात
पडिल्ल्याचें दुख्ख कोणाक ना
वाऱ्याचो भंय ना, धोलत आसात.

4

झाडाक कितल्यो चिचो लागल्या
चिचेचेर माकड बसल्या
चिचेपोंदा भुरगे भोंवता
बोल्सांनी चिचो भरता
भुरग्यांक घरचो भंय आसा
माकडांक कोणाचो भंय?
भुरग्यां मनांत विचार येता
आमी माकड कित्याक जाले नात?
चिचेर चडूंक मेळटालें
नाचूंक खेळूंक मेळटालें
आवयचो धेंगसो नासलो
थंडी-जोरा भंय नासलो.

5

चिचेकडल्यान रस्तो गेला
रस्तो पयस पयस गेला
रस्त्यान मर्दीच मोडण घेतलां
मोडणाचेर झाडां आसात
झाडांचेर सुकणीं बसल्यांत
सुकण्यांनी घोटेर केल्यात
घोटेरांनी पिलां आसात
पिलां खेळटात, ल्हानपणाची याद दीत.

6

रस्त्यावेल्यान जाण्टेलो वता
'बाप्पा खंय वता'?
भुरगीं ताका विचारतात
'बाप्पा' उतराचो राग येता
आनी तो म्हण्टा, 'मसणांत'
'आमीं पावंक येवं'? भुरगीं विचारतात
'व्होसीमोर, लागा चलूंक'
भुरग्यांचेर तो ताणशेता
भुरगीं हांसत, धांवत वतात
जाण्टेल्याक ल्हानपणाची याद येता.

7

भुरगीं धांवत व्हाळार वता
व्हाळांतसून उदक व्हांवता
कागदां पिंदून व्हडीं जातात
उदकावांगडा व्हांवक लागतात
एक मुखार, एक फाटल्यान
म्हजें पयलें, तुजें फाटल्यान
व्हडीं उदकांत बुडटात
हेवटेन तेवटेन पळेत एक भुरगो
व्हाळांत देंवता, व्हडीं काडूंक
बांदावेल्यान वचपी धेंगशेता
'सरात वयर, मरूंक उठल्यात?
चला पयलीं घरा'!
भुरगीं धांवत घरा वतात
धेंगशेवप्याक याद जाता भुरगेपणाची.

8

व्हाळ व्हांवता, व्हांवत वता
ओड ताका न्हंयक मेळची
गांव सोडून शारांत रावची
न्हंय व्हांवता शारा लागसून
ल्हान-व्हड बोटी घेवन
शारांतले लोक न्हंयचे देगेर
येतात फिरूंक, वारें खावंक
शार बरेंच व्हड आसा
ताका हुपून न्हंय वता
शार सगळें पळेत पळेत.
शार सदांच बदलत आसता
लोक थंयचे वाडत आसता
जायते जाण न्हंयचे देगेर
कामां करून वतना दिसतात
न्हंय पळेता उगड्या दोळ्यांनी
दादले, बायलो वळखुंकूच येना
घाणीचें कोणाक कांयच दिसना
खेड्यांतूय तेंच, शारांतूय तेंच
घरां मात व्हडलीं, मळबाक तेंकतात

9

न्हंयचेर एक पूल आसा
पुलावेल्यान गाडयो धांवतात
न्हंये लागीं सर्त करीत
काळोख शाराक लिपयता
मागीर पुलापोंदा, न्हंयचे देगेर
हातांत बाटल्यो घेवन कांय लोक
मजा मारतात आनी कांय वेळान
थंयच आड पडटात
काळोख तांकांय लिपयता
रित्या उगड्या बाटल्यांतसून
वास वाऱ्या वांगडा व्हांवता.

10

न्हंय दर्या लागीं पावता
तेन्ना तिचें अस्तित्व शेणटा
दर्या वेळेर लोक बसल्यात
कोण भेळ खाता, कोण आनीक किदें
कोण बांकड्यार बसल्यात
कोण रेवेंत, कोण भोंवतात
दर एकलो आपलेपरीन घाण करतात
भुरगीं खेळटात रेंवे वांगडा
कांय न्हातात उदकांत
कांय खेळटात ल्हारांवांगडा
हेवटेन तेवटेन धांवतात, नाचतात
जाण्टे तांचेर धेंगशेतात
तांकां याद जाता ल्हानपणाची
आनी दर्याक याद जाता
गांवांतल्या व्हाळांतली.

■■■

6.

तुज्यो कविता

1

तुका पळेतनाच जल्मल्यो ह्यो कविता
हांतलीं उतरां तुजीं
आनी सांगचेंच जाल्यार
कवितांचें श्रेय सगळें तुकाच फावो
तुज्योच कविता ह्यो
म्हाका जल्मापसून शिकयल्ल्यो
म्हाका न्हिदयतना गायल्ल्यो
हांवे येतना वतना पळेल्ल्यो
अणभवल्ल्यो
फकत तुका पळेतना तांचो जल्म जालो
तुका पळोवन याद जाली जावंये
रामाक पळेतकूच मारुतीक
आपल्या पराक्रमाची याद जाल्ली तशी
पूण एक कर
वाचतना हांसत वाच
चुको नदरे मुखार हाड
बरें विसरून गेल्यार जाता
दोळ्यांत दुकां मात येवंक दिवं नाका.

2

म्हजो जल्म जालो
तो हांसत हांसतूच
हेर रडून जल्माक येतात
आनी जिवीत हांसून काडटात
देखुनूच जावंये
हांव रडून जिवीत वगडायतां
त्या वेळार हांव हांसतालों
आनी घरचीं दुखेस्त आशिल्लीं
तांकां 'तें' जाय आशिल्लें
जल्मलों हांव - 'तो'
पूण हांव तरी कितें करतलों
जल्म म्हज्या हातांत थोडोच आसलो
पूण एक खरें,
जल्मतना पळेलीं दुख्खी तोंडां,
आवयचें वेदनेन दुखावल्लें
आनी हेरांची म्हाका पळोवन दुखलेलीं
तांकां पळोवनूच जावंये
हांव म्हजें दुख्ख विसरून हांशिल्लों.

3

जल्मलों म्हणटकूच,
हेर सोपस्कार जावंकूच जाय
सगळे तेच तयारेक लागले
आनी म्हाका नांव दवरलें
नांवान कितें आसता?
सगळें आसता पत्रिकेंत
पत्रिका ज्योतिशी मांडटा
भुरग्याचो फुडार पळेत
ताका फुडार कसो दिसता?
कोण सांगतलो!
पूण एक मात खरें,
अशाच एका ज्योतिश्यान
म्हजी पत्रिका मांडली
आनी सगळे निर्धास्त जाले,
पत्रिकेप्रमाण घडटलें समजून
घडपाचें घडत रावलें
सूर एकेवाटेन आनी
पेटी दुसरेवाटेन वचची तशेंच
नशीब कुंडलेक सोडून धांवलें.

4

अपेश हें यशाचें पयलें सोपण
देखुनूच जावंये, बापूय
दर अपेसा उपरांत पत्रिका चाळटालो
आनी म्हणटालो, फुडार बरो आसा
पत्रिका सांगताली,
बाब बरो शिकतलो
हातांत पयसो घोळटलो
बाब नांव काडटलो
दर पावसांत थंडी जावन
हांव शिंकतालों,
पयसो फकत घोळटालो, नाच जातालो
दर परिक्षेंत घोडे खातालों
सगळ्यांच्या तोंडांतलो जाल्लों
नांव काडटालों.

5

स्कुलांत, घरांत, सगळेच कडेन
हांव फाटींच उरतालों
तरी विचार करतालों
फुडार बरो आसा
इश्ट खूब जोडलेले
फाटले येवन मुखार गेल्ले
सगळ्यांक सादयत, सादयत
वाट हांव चलतालों
दर परिक्षेक आशावादी
दुखेस्त केन्ना जालों ना
जायतीं दुख्खां पचयलीं
हांसो केन्नाच सोडलो ना
थोमणे सोंशीत सोंशीत वाट चलतालों
कालचे इश्ट, आयचे दुस्मान
सगळ्यांक येवकार दितालों
जिवितांत कितेंतरी करचेलो
आसलो विचार पूण
पत्रिका नशीब घडयतली वाट देखतालों.

6

जिवीत सादेपणींच गेलें
कांयच म्हळ्यार कांयच घडलें ना
आनी एक दीस तूं दिसलें
हांव जागो जालों
बोट काडलें तेंय चुकलें
पूण आस सोडली ना
तुजी फाट सोडली ना
तूं आशिल्लेंच तशें
कोणाकूय पिशें लागपाचेंच
वाऱ्यान जशें व्हांवचें
तशेंच तूं वतालें
वतांवतांच सगळ्यांक पिशें लायतालें
निमणें हांवें थारायलें
तुका वचून विचारचें
मन तयार जालें ना
आनी आशेर रावलों
पत्रिकाच जुळोवन दितली आमकां.

7

एकदीस धीर केलो
आनी तुजेलागीं गेलों
भियेत भियेत विचारलें तेन्ना
तूं हांसतूच उरलें
पांयजणां वाजचीं तशीं
हांव थंयच थंड जालों
कळना म्हाका कितें करचें
फाट फिरोवन कशें वचचें
हांव तुका पळेत उरलों
तूं पोलक्याचे हूक सोडटालें
दोन हूक सुटले आनी
दोळ्यांत म्हज्या दुकां आयलीं
कांय खीण कळ्ळें ना
कितें करचें, करचें कितें?
तुज्या थानांवेलो मणी
म्हाका पळोवन हांसतालो
पळे पिशा तुजे पयलींच
हांव हांगा पावलों, हेंच सांगतालो.

8

तूं बशिल्लें आसतलें
तेन्ना, हांव धांवतलों
रस्तो मेळत थंयच्यान
धांवत सुटिल्लों
परत एकदां म्हाका याद जाल्ली
पत्रिकेची - म्हाका खुणायताली
परत एकदां अपेस
आनी सगळ्यो यादी
मुखार सगळो काळोख
पूण फुडार बरो आसा
हे आशेर जगपाचें.

■■■

7.

तुवें घात मारलो

धरून म्हज्या हाताक नातू
रस्त्यार म्हाका व्हरतालो
चलूंक आपूण शिकलां म्हण
सगळ्यांक दाखोवंक सोदतालो
पोरसांतल्या सवण्यांक पळोवन
खुशालकायेन हांसतालो
वाटेवयल्या कुतू-माऊंक
धरूंक तो धांवतालो
एक एकदीस कसो
खोश्येन भरून व्हांवतालो
नातवा वांगडा म्हाकाय
भुरगो करून सोडटालो
मर्दींच रे तूं खंयच्यान आयलो ?
ताका-म्हाका भायर सरपाचो बंद केलो
कोरोना, तुवें घात मारलो.

शेजारचें बाय आपलें
मुमुरख्यानींच हांसतालें
रस्त्या दिकेन तोंड करून
बशिल्ले कडेन मुरगुट्टालें
केन्ना तो येतलो आनी
पासयेक वचूंक मेळटलें
हाचींच घडये सपनां तें
मनांतल्यान देखतालें
हाताक मेथी रंगचेले
ताचे दीस लागीं येताले
यादीन नव्या संवसाराच्या
गाल ताचे रंगताले
मेथी थंयच उरली, हाताक
सेनिटायझर लावचो पडलो
कोरोना तुवें घात मारलो.

काय बरे सकाळ सांज
पासयेक सगळे वताले
घाम बरो गळोवन आपलो
साकर जाग्यार घालताले
भंयांनूच सगळे आतां
घरांत बसून रावले
चिंतेनूच फुडाराच्या
साकर वाडोवन बसले
बाजार पडलो बंद सगळो
गरीब बाबडो उपाशीं
बुडून तांचो दिसवाडो
नशिबांत आयल्या फांशी
केले सगळ्यांक बेकार तुवें
तोंडांतलो घांस व्हेलो
कोरोना तुवें घात मारलो.

कांय जाणांचीं लग्नां कशीं
गडगडाटान जावचीं आसलीं
थोड्यांचीं म्हयन्यां फुलां
दबाज्यान मनोवपाचीं आसलीं
बाबुल्यांचे पयलेवयले
वाढदीस आसले करचेले
दातोळ्यांचे सुवाळे
आसले मगा मनोवचेले
सगळे कशे सामके
उमेदीन भरलेले
दीस लागीं पावता तशे
तयारेकूय लागलेले.
सगळ्यांचेच उमेदीचेर
विरजण तुवें घालें
करोना कितें तुका येवजलें?

अशें कितें सुचलें तुका
कित्याक तूं अवतरलो?
कोणाक जाय पडलो तूं
काय कोणे तुका आफयलो?
कित्याक म्हणून ना केली
जिवितांतली आमची खोशी
सुशेगादीन जियेताले आमी
करून उडयले तुवें आळशी
कितलो तेंप मनीस असो
घरांत बसून रावतलो
सण आनी फेस्तां आमचीं
सांग रे कोण मनयतलो?
कोरोना, तुवें घात मारलो
एकमेकां कडलो संबंध आमचो
पयस करून उडयलो.
कोरोना, तुवें घात मारलो
कोरोना तुवें घात मारलो.

■■■

8.

अपेस सगळें इव्हियमाचें

दिल्लीक वचूंक आयला जोगी
दारांत येवन होरायता
चड कांय ना गा, फकत
तुमचें एक मत मागता.
विकासाक मत दियात
बळकटीक मत दियात
न्यायाक मत दियात
भ्रश्टाचारा आड वचात.
तुमी म्हजे, हांव तुमचों
सदांच आसता याद
खिणभराक वचात विसरून
आमचे मदले वाद.
फकत एकूच करात तुमी
दियात तुमचें मत
तुमच्या एका मतामुखार
ना गा कसलें कोंत.
एका मताखातीर सायबा
कितेंय आमी करूं
मनां तुमचीं जिखचेखातीर
सर्गार लेगीत तुमकां व्हरूं.
मत तुमचें मेळचेखातीर
दारांतलें तुमच्या जावं गोरूं
दर्यांत व्हरून बुडोवं आमी
विरोधकाचें तारूं.

आमीच खरे देशभक्त
विरोध करपी देशद्रोही
सत्ता हातासून तांकां
करूंक लायतां त्राही त्राही.
मतां खातीर सांगतां आमी
खंयच्च्याय थरार वचूं
कमरेचें माथ्याक बांदून
गांव गांव नाचूं.
हातासची सत्ता कशी
आमचे कडसून शिकचें
तुमच्या कल्याणा खातीर
मत आमकां विकचें.
मोलावन मत तुमचें
कितेंय तुमकां दिवं
एन केन प्रकारेन
सत्तेर आमी येवं.
फुकट तुमचें मत नाका
मागता तें मेळटलें
हेच दीस जोडपाचे
केन्ना तुमकां कळटलें?
तुमकां जाय तर सुर्य दितां
मळबांतलीं कुपां दितां
दनपारच्या कडक वोतांत
मंद शितळ चान्ने दितां.
फकत मागून पळयात
उमाशेचो चंद्रूय दितां
जाय तर तुमकां म्हजें
तन मन धनूय दितां.

उतरां सारकीं समजून घेयात
फाल्यां नाकात वाद
कितें सांगता आमी ताची
दवरात बरी याद.
मत घेवन वतां आनी
दिना कसलोच त्रास
पांच वर्सां उपरांत येतां
घेवंक तुमचो वास.
वेंचणुकेचे दीस हे
शिगम्या सणाचे
पोंटांतलो रांप सगळो
भायर घालपाचे.
हेवटेंतल्यान तेवटेन
उडयो मारपाचे आनी
शेजाऱ्याचे वसरेर
वचून हीत आपलें सादपाचे.
कोणाक देंवचार उबारता
झाडार लिपोवन दवरता
आपलें काम सादतकूच
ल्हवूच परतो पावयता.
सूर-रोंट मेळपाचे
हेच गा ते दीस
कोण दितलो वीस
तर कोणाले तीस.
आतांच जिबेर पडटलो
कोंबडी आनी सोरो
पाट्यो बरो दिता तोच
उमेदवार आमकां बरो.

ह्याच वेळार सगळ्यांचे
जिबेर उतरां घोळटात
कोणाकोणा भानगडी
सामक्यो वाऱ्यार हुबतात.
येतल्यो उफेवन वयर आतां
टँडरांतल्यो भानगडी
इफ्फी कामां घोटाळे घेवन
खेळटले गा तालगडी.
कोण वाटीत उदका टांकयो
कोण दीत फुक्याक नळ
उपरांत मात उदका खातीर
हेवटेन तेवटेन पळापळ.
स्वार्थ सादोवंक आपणालो
तीन कडेन तीन माचयो
कशेय तरेन मेळोवंक जाय
आपणा खातीर सत्ते चावयो.
कालचे इश्ट, आयचे दुस्मान
एकमेकां न्हेसणाक हात
सत्ता म्हणल्यार जशे कितें
हांच्याच बापायचो फांत.
म्हयन्याक बारा, वर्साक ब्यात्तर
हजारांच्योच खबरी
कोण म्हणटलो राममंदिर
कोणाक जाय बाबरी.
मतां खातीर जाती-धर्मा
ध्रुविकरण करपाचें
उलोवपांत मात स्वताक
निधर्मीच म्हणापाचें.

कोणा जात, कोणा पंथ
रोखडेंच जगजाहीर जाता
निधर्मी म्हणपी लोकांकूय
जानवें आनी गोत्र लागता.
कोणाक जाता रामा याद
कोण भक्त शिवाचो
फकत मतां खातीर गा
खेळ हो करपाचो.
कोणाक गंगा आफयतली
कोणाक म्हादय सादयतली
एकदां वेंचून येतकूच
सगळींच सगळें विसरतलीं.
कोणाक याद जवानांची
रगत सांडिल्ल्या शहिदांची
तिकेटी मेळोवंक मात
लागता फौज गुंडांची.
कोण पप्पू, कोण फेकू
कोण नमो, कोण रागा
कशें हांकां समजावपाचें
इल्लो संयम सांबाळून वागा.
कालचे इश्ट आज कशे
कळना हांचे दुस्मान जाता
आनी भर सभेमाजार
अंतरवस्त्रांक हात घालतात.

कळना कशें हाणीं आपलें
भान सामकें सोडलां
करता कितें आपूण हाचो
विसर तांकां पडला.
फकत खुर्चे खातीर हाणीं
पावणेर काडलां नाक
खुर्चे हांव सुटना कशीच
पडलें फाटीक जरी वांक.
पळेयात हांची वागची तरा
कितेंय दिवंक तयार
हातांत नाशिल्लेंय दिवन
ते करीत तुमकां वयार.
वेंचून तुमी दियात आमकां
आमी सुरू करूं खणी
सामकें मगा सोपें तें
केंसार जशी मारची फणी.
हांगच्याच कित्याक शेजारच्याय
भुरग्यांक आमी कामाक लावं
पणसा घरे तुमकां दितां
आमी चारां मांव, खावन रावं.
मतांखातीर भेश्टायत कोणूय
दितले म्हणून शाप
भियेवन विसरुन वचशात
केलां कितलें ताणीं पाप.

कावळ्या शापान गाय मरना
जाणटेले सांगून गेले
तरी कांय कावळे
कांव कांव करीत उरले.
सगळें करून निमाणें
'तो मी नव्हेच' म्हणटले
हांच्या नादाक लागून
आमी मात शेणटले.
यू टर्न पळोवपाची
जाल्या आमकां संवय
खरें लेगीत उलोवप्याक
म्हणूं आमी आवंय.
गाळी फस्ती सगळ्यो ह्या
शिगम्यांतूच मेळपाच्यो
सोंपलो हो खेळ मागीर
खेळा वांगडाच विसरपाच्यो.
एकदां शिगमो सोंपू दी हो
पडटलें सगळें जाग्यार
खंय तुमी, खंय गा ते
कोण वतलो तांच्या मागार?
एक मात दवरात मतींत
ते सगळे एक जातले
सत्ते पदां मेळोवचे खातीर
तांचे वेंगेत पसून वतले.
आमी मात तांचे खातीर
इश्टांकडेन वायट जातले
तांच्या नादाक लागून आमी
शेजाऱ्याची दुस्मानकाय घेतले.

देखून सांगतां उलोवप तांचे
मनोरंजन समजुपाचें
आयकून सगळें घेवपाचें आनी
ताळयो मारून विसरपाचें.
कांय दिसांनीच हाचो
निकाल लागतलो
जिखपी ताळयो मारतलो
आनी हारपी, इव्हियमाक खेपतलो.
बरें जाल्यार खंय घोवा-बायलेचें
आनी वायट जाल्यार रायबाऱ्याचें
हांगाय सायबा तशेंच घडपाचें
अपेस सगळें इव्हियमाचेर थापपाचें.

■■■

9.

नवें गोंय

आमकां सायबा एक
नवें गोंय घडोवचें आसलें
कुबड्यांचेर चलपी
हें गा तें गोंय नासलें.
नवें गोंय घडोवपाक
सरले जरी मुखार आमी
सत्तेच्या हावेसान
आमकांच फाटीं वोडूंक लागले.
नव्या गोंयच्या गोंयकारांक
मोगा संदेश दिवचो आसलो
दुस्माना आड झुंजपाक
एकवट आमकां सादचो आसलो.
तरी आमी एकवट सोडून
आमचे मदींच झगडत उरले
दुसऱ्यांचे पांय वोडूंक
खोशी मानूंक लागले.

नवें गोंय घडोवंक म्हणून
मुखार आमी सरिल्ले
आज जें दिसता आमकां
तें गा सायबा गोंय नासलें.
नव्या गोंयांत आमकांय
नवे घडचे आसले
नवी बुन्याद, नवें घर
नवेंच सगळें करचें आसलें.
आमी नवे घडचे सोडून
नवेच लोक भितर सरले
आपल्या हातींत घेवन सुत्रां
शेक आमचेर गाजोवंक लागले.
हे गा भायले, हे गा भायले
आमी फकत आड्डत उरले
फुडार आमचो कसो आतां
चिंतपाचेय विसरून गेले.
चिंतपाकूय नकळो जाल्ले
हे गा सायबा लोक कसले?
नव्या गोंयांत असले लोक
आमी काय चिंतूक नासले.
आमच्या आयच्या नव्या गोंयांत
नवलाचेच लोक जाल्यात
आपली भास येना तांकां
हेरांचीच उलोवंक लागल्यात.
आमचे भुरगे नोकरे खातीर
कट्टी हातांत घेवन भोंवतात
नोकरी तयार जावचे पयलींच
भायलेच येवन थंय घुसतात.

तरी पेटून उठपाची
कोणाचीच इत्सा ना
कितेंय करून दाखयतले
म्हणपाचीय आस ना.
नव्या गोंयचे गोंयकार नवे
लाचार म्हणून चिंतूक नासलें
आज आमी देखतात
हे गा सायबा गोंयकार कसले?
नवें गोंय घडोवंक म्हणून
मुखार आमी सरिल्ले
आज जें पळेतात
तें गा आमचें गोंय नासलें
तें गा आमचें सपन नासलें.

■■■

10.

कांदो आनी बटाट

कांदो आनी बटाटाचें
एकदां बरेंच पेटलें
व्हडपण आपलें सांगतना
तोंडाक तोंड लागलें.
बटाटान म्हळें, म्हजे बगर
सकाळ कशीच उदेना
च्याये वांगडा करूंक भाजी
दुसरो कोण गावना.
जेवणांतूय हांवूच जाय
केन्ना भाजी, केन्ना फोडी
रोस केन्नाय, केन्ना कुंवळ
हांव वाडयतां जेवणाची गोडी.
चिकन मटण वाडोवंक
म्हजोच जाता वापर
चिवडो बी करतना
म्हाकाच लागता कातर.
दर एका कामांत
हांवूच तांकां जाय
मागीर जाल्यार जाता
पोटांत तांच्या वाय.
कांद्यान उगडून तोंड म्हळें,
म्हजेबगर कोणाचेंच जायना
हांव नासलों जाल्यार
जेवणाक कशीच रुच येना.
करूंक तुजी भाजी
म्हजीच गरज पडटा
हांव नासल्यार भाज्जेची

रुच सामकी इबाडटा.
कापतना म्हाका जरी
दोळ्यांत येता दूक
जेवणा रुच वाडोवन
घेतात सगळीं सूख.
आसूं शिवराक वा नुस्तें
सगळ्याक हांवूच लागतां
सालादांत लेगीत
म्हाकाच मान आसता.
दर म्हजी वाडटा तेन्ना
सगळो संवसार रडटा
सत्तेवेलें सरकार लेगीत
घडायंच करून पडटा.
वोगीच मरे बटाट्या
करूं नाका म्हजेकडेन सर
जल्मतांच दिला देवान
म्हाका तसो वर.
आयकूच हें बटाट
खिणभर जालें धवें
चितूंक लागलें सांगचें कितें
हाका आतां नवें?
म्हळें ताणें, खरें तुजें
मेळ्ळा तुका तो मान
पूण देवाच्या निवेद्यांत
खंय रे तुका स्थान?
आयकून हें कांदो
तांबडो तांबडोच जालो
आनी फाटल्या पावलांनी
ल्हवूच फाटीं सरलो.

■■■



अभयकुमार वेलींगकार:

पाच कविता संग्रह, एक कथा संग्रह, एक एकांकी संग्रह, एक नाटक आनी दोन नवलिका.

बालसाहित्याचीं 25 पुस्तकां : जातूंत 8 काणयां झेले, 6 कवितां झेले, 8 चरित्रां आनी 3 अणकारांचो आस्पाव. 'इंग्लिशींतल्यान कोंकणी शिकात' ह्या स्वयंशिक्षकाचो गोंयांभायल्या कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांक लाव.

मैथिली, मराठी, हिंदी आनी इंग्लीश भाशेंतल्या पुस्तकांचे कोंकणी अणकार.

1989त 'दीस उदेतकूच यो' कविता संग्रहाक आनी 1990त 'कंवच्यो' कथा संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचे पुरस्कार. 2019त कोंकणी भाशा मंडळाचो चंद्रकांत केणी यादस्तीक स्तंभलेखन पुरस्कार.

शणै प्रकाशन
वेलींग

ISBN : 81-86390-22-7

मोल : ₹ 130/-